# गोंय मुक्ती दिसाचो 60 वो वर्धापन दीस मनयलो

ता. 19 डिसेंबर 2021

कांपाल पणजी हांगाच्या परेड मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळयात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी केली आनी मानवंदना दिली.

गोंय मुक्ती दिसाच्या 60 व्या वर्धापन दीस सुवाळयात जनतेक उद्देशून उलयताना मुख्यमंत्र्यान स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांनी गोंय मुक्ती खातीर केल्ल्या त्यागाचो उगडास करून गोंयच्या लोकांनी तांच्या त्यागाची सदाच याद दवरपाचो उलो मारलो.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान आपल्या सरकारान सदाच लोक कल्याणकारी विकास प्रकल्प आनी येवजणांक पयले प्रधान्य दिल्ल्याचे सांगून मुख्यमंत्री म्हूण आपणे प्रामाणिक पणान आपले कर्तव्य आनी जबाबदारी निभावपाचो यत्न केल्ल्याचे म्हणलें. सरकारान आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाची अंमलबजावणी करून केंद्र तसेंच राज्य सरकाराच्या येवजणांचो लाव गरजू लोकांक मेळोवन दिवपाचो प्रयत्न केलो. गोंयच्या बायलांक आनी युवकांक आत्मनिर्भर करपाच्या उद्देशान राज्य सरकारान कुशळटाय विकास कार्यक्रमांचे आयोजन केले, अशें म्हणलें. सरकारान लोकांक आवश्यक साधनसुविधा उपलब्ध करपा खातीर अनेक म्हत्वाच्या विकास प्रकल्पाचे निर्माण केले. राज्यांतल्या 100 टक्के पात्र लोकांक कोवीड वासीनाचो पलयो डोस दिला, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस अधिकारी, उजो पालोवपी दळाचे अधिकारी, होमगार्ड, रानां खात्याचे अधिकारी आनी हेर अधिकाऱ्यांक मुख्यमंत्री पदकां भेटयली.

श्री. निलेश चोडणकर, श्री. देवीदास सुर्लीकर, श्रीमती गौरवी गोविंद वेळीप हांका मुख्यमंत्री शौर्य पदक भेटयले.

तशेंच मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं वासुदेव उर्फ वंदीत नाईक हांकां कृशीरत्न, अनिथा वालिकप्पन हांका कृशी विभूषण आनी गौतम कामत हांका कृशी भुषण पुरस्कार भेटयलो. दिलीप पुंडलीक नारूलकर, फा.इनासियो आल्मेदा, जयवंत राणे, नाहीद अहमद शेख, चंद्रहास देसाय हांका खास पुरस्कार भेटयले.

कु. वैष्णवी जोशी, मा. गुरूदत्त कुळकर्णी हांकां बालश्री पुरस्कार भेटयले.

मुक्ती दीस सुवाळयाच्या संचलनात पुलीस पंगड, एनसीसी पंगड आनी शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी भाग घेतलो.

सुवाळ्याक केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, मुखेल सचिव श्री. परिमल राय, प्रधान वित्त सचीव पुनित कुमार गोयल, सरकारी सचिव, डीजीपी श्री. इंद्रदेव शुक्ला, , एडव्होकेट जनरल श्री. देविदास पांगम, हेर सरकारी अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थ्यी आनी नागरिक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1061

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji